Panaji राष्ट्रीय खबरो 27.03.2026 @ 8.40 am

मुखेल खबरो

- परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी आपले फ्रेंच सम पदस्थ जीन-नोएल बॅरोट वांगडा द्विपक्षीय चर्चा केली
- आयातीवेले अवलंबित्व कमी करपाक भारत महत्त्वपूर्ण खनिजांच्या उत्खननाक गती दिता अशे केंद्रीय विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंग हाणी म्हणला
- देशभरात एलपीजीचो उणाव ना सरकारकडे ७४ दिसांची एकूण राखीव क्षमता आसा अशे आश्वासन सरकारान दिला.
- खेलो इंडिया आदिवासी खेळाच्या दुसऱ्या दिसा जलतरणपटू मणिकांत एल. हाणे भांगरा पदकांची हॅट्ट्रिक पूराय केली.

-----

जयशंकर 90

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी काल जाल्या जी७ परराष्ट्र मंत्र्यांच्या बसकेत (जी७ FMM) संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा परिषदेतली सुधारणा, शांतता मोहिम सुव्यवस्थित करप आणि मानवतावादी पुरवन साखळी मजबूत करपाच्या गरजेर भर दिला. डॉ. जयशंकर यांनी एका सोशल मीडिया पोस्टत सांगले की, त्यांनी जागतिक प्रशासनातल्या सुधारणांविशी चर्चा केली. त्यांनी खासा ऊर्जा आव्हाना, खतांची पुरवण आणि अन्न सुरक्षा यांबाबत 'ग्लोबल साउथ'चे हुसके उत्तायले. परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी फ्रान्सातले अॅबे दे वॉक्स-दे-सेर्ने हांगा त्यांचे फ्रेंच सम पदस्थ jean नोएल बॅरोट वांगडा द्विपक्षीय चर्चा केली. भागीदार देशा वांगडा जी-७ परराष्ट्र मंत्र्यांच्या बसकेत सहभागी जावपाक डॉ. जयशंकर दोन दिसांच्या फ्रान्स दौऱ्यार आसात.

जितेंद्र 100

आयातीवेले अवलंबित्व कमी करपाक भारत महत्त्वपूर्ण खनिजांच्या उत्ख/न/नाक गती दिता अशे केंद्रीय विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंग हाणी म्हणला. स्टार्टअप-आधारित खाणकाम परिसंस्थेक प्रोत्साहन दिता आणि मजबूत देशांतर्गत मूल्य साखळयो तयार करता अशे नवी दिल्लीत राष्ट्रीय खनिज उत्ख/न/न आणि विकास ट्रस्टच्या नियामक मंडळाच्या बसकेत उलयतांना ताणी सांगले. मंत्र्यांनी उत्खननाक गती दिवप, देशांतर्गत क्षमता मजबूत करप आणि महत्त्वपूर्ण खनिज क्षेत्रात सहभाग वाडोवप या प्रमुख प्राधान्य क्रमांची रूपरेषा मांडली. या बसकेचे सह-अध्यक्षपद केंद्रीय कोळसो आणि खण मंत्री जी. किशन रेड्डी यांनी सांबाळले. डॉ. सिंह यांनी  भर दिलो की, उत्खननाचो वेग, विशेषतः लिथियम आणि हेर महत्त्वपूर्ण खनिजां खातीर जागतिक मागणी आणि भारताच्या धोरणात्मक गरजांकडे सुसंगत आसुक जाय.

Rijiju – 50

अस्तंत आशियांत संकश्ट आसून लेगीत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारताची अर्थवेवस्था सामकि बरे प्रदर्शन करता अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी सांगलां. ते नवी दिल्लीत एका खाजगी चॅनलान घडोवन हाडिल्ल्या परिशदेंत उलयताले. भारत उर्जा संसाधनां खातीर हेर राश्ट्रांचेर अवलंबून आसा आनी आपल्या उर्जा आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर उपाय काडटा अशें रिजिजू हांणी नमूद केले.

एलपीजी 130

देशभरात एलपीजीचो उणाव ना सरकारकडे chvryattr  दिसांची एकूण राखीव क्षमता आसा अशे आश्वासन सरकारान दिला.  भारताकडे chavryattr  दिसांची एकूण राखीव क्षमता आसा आणि कच्च्या तेलाचो साठो, उत्पादित तेलाचा साठो आणि  प्रत्यक्ष साठो सध्या सुमार ६० दिसांचो आसा. पेट्रोलियम आणि नैसर्गिक वायू मंत्रालयान पुनरुच्चार केला  की, भारतातील पेट्रोलियम आणि एलपीजी पुरवणीची परिस्थिती पूरायपणान सुरक्षित आणि नियंत्रणात आसा. मंत्रालयान सांगले की, सगळया किरकोळ इंधन केंद्रांर फाव तितली पुरवण आसा आणि देशभरात खंयच पेट्रोल, डिझेल वा एलपीजीचो उणाव ना. मंत्रालयान माहिती दिली की, भारताक जगभरातल्यान

एकेचाळीस परस चड पुरवण दारांकडच्यान अधिक कच्चे तेल मेळटा. मंत्रालयान सांगले की, प्रत्येक भारतीय रिफायनरी १०० टक्के परस चड क्षमतेन कार्यरत आसा. मंत्रालयान अशेय म्हणला की, देशभरात एलपीजीचो उणाव ना. देशांतर्गत रिफायनरी उत्पादन ४० टक्क्यांनी वाड्याला, जाका लागुन दिसपट्टे एलपीजी उत्पादन ५०,००० मेट्रिक टन जाला जे देशाच्या गरजेच्या ६० टक्क्यां .परस चड आसा.

वैष्णव 90

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी देशभरात 'कवच ४.०' अंमलबजावणीच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. रेल्वे मंत्रालयान सांगले की, अधिक कार्यक्षम रेल्वे संचालन सुनिश्चित करपाक अंमलबजावणीक गती दिवप आणि प्रगत तंत्रज्ञानाचो वापर करपाचेर या बसकेत लक्ष केंद्रित केले. मंत्रालयान सांगले की, कवच प्रणालीचे रिअल-टाइम निरीक्षण आणि भविष्यसूचक देखभाल सक्षम करपाक एक एकीकृत कार्यसंचालन व्यवस्थापन प्रणाली म्हणून 'सुरक्षा' नावाची एक केंद्रीकृत देखरेख माची विकसित करतात . मंत्रालयान माहिती दिली की, आता मेरेन ३ हजार १०३ मार्ग किलोमीटराचेर कवच स्थापित केला. आनी उच्च-घनता आणि उच्च-उपयोग आशिल्या कॉरिडॉरसयत चोवीसहजार चारशे सत्तावीस  मार्ग किलोमीटराचेर सध्या कवचचे काम प्रगतीपथार आसा. उडान 2.2 अंतर्गत १०० नविन विमानतळ बांद्तले अशी माहिती ताणी दिली

अरब 45

काल अबू धाबींत एका भारतीय नागरिकाक दुर्दैवी मरण आयिल्ल्यान संयुक्त अरब अमीरातांतल्या भारतीय दूतावासान दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडियाचेर दिल्ले पोस्टांत दूतावासान सांगलें, दुर्दैवी घडणुके वेळार कोसळपी कोळशा खाला आडखून पडून मरण आयिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया. युएईच्या अधिकाऱ्यां कडे समन्वयान आसा आनी शक्य तितली मजत आनी सहकार दितात अशे दूतावासान सांगलें

ट्रम्प 50

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणाक होर्मुझ सामुद्र/धुनी उक्ती करपाची मुजत 6 एप्रील मेरेन वाडयल्या.सोशल मिडियाचेर ट्रम्प हांणी इराणी उर्जा प्रकल्पांचेर बॉम्ब हल्ला करचो ना अशें सांगलां. मजगतीं, हजारांनी अतिरिक्त अमेरिकन सैन्य ह्या वाठारालागीं पावलीं. इराणाच्या आदारान हिजबूल्ला/आड झुजपाखातीर इझ्रायलान दक्षिण लेबनानांत चड सैन्य धाडलें आनी तेहरानान महत्त्वपूर्ण होर्मुझ सामुद्र/धुनीचेर आपली पकड खर केल्या

खेलो इंडिया 40

खेलो इंडिया आदिवासी खेळाच्या दुसऱ्या दिसा जलतरणपटू मणिकांत एल. हाणे २०० मीटर 'इंडिव्हिज्युअल medley ' प्रकारात भांगरा पदक पटकायत, भांगरा पदकांची हॅट्ट्रिक पूराय केली. ओडीशाच्या अंजली मुंडा हाणे बायलांच्या २०० मीटर 'इंडिव्हिज्युअल medley ' प्रकारात भांगरा पदक जिकले आणि या सरतीतले आपले दुसरे भांगरा पदक निश्चित केले.

फुटबॉल 50

मालदीवची राजधानी माले हांगाच्या नॅशनल फुटबॉल स्टेडियमांर काल पाकिस्तानाचेर 3-0 अशे दणदणीत फरकान पराभव करत दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन साफ अंडर-20 चॅम्पियनशिपांत गत विजेतो भारतान मोहिमेची विजयी सुरवात केली. ह्या जैताक लागून भारतान सर्तीच्या उपांत्य फेरयेंत पावला घाला जाल्यार कट्टर प्रतिस्पर्धी पाकिस्तानाक भायलो रस्तो दाखयला. आतां फाल्यां सेमी फायनलींत भारत बांगलादेश आड खेळटलो.

वेदर 80

भारतीय हवामान खात्यानं आज उप-हिमालयीन पश्चिम बंगाल, आसाम, मेघालय आणि सिक्कीमात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास काडला . तशेच ने बिहार, झारखंड, ओडिशा, तेलंगणा आणि उत्तराखंडात फाल्यामेरेन वीज आनी वादळी वाऱ्याचो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला. छत्तीसगड, उदेंत राजस्थान, उदेंत उत्तर प्रदेश, अंतर्गत कर्नाटक, मध्य प्रदेश

आणि विदर्भ या भागांनिय  अशीच परिस्थिती राअस्पाची आसपाची शकताय असा  कर्नाटक, कोंकण, गोंय , मध्य महाराष्ट्र आणि ईशान्येकडच्या  राज्यांनि फाल्या मेरेन पावस आणि वीज पडपाची शक्यताय आसा जाल्यार  केरळ आणि माहे हांगा  आज उष्ण आणि दमट हवामान आसतले अशे हवामान खात्यानं कळयला

**नमस्कार**